Panaji National

8th July 2026 8.40am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी इंडोनेशियाच्या संसदेत उलोवप करपी पयलेच भारतीय प्रधानमंत्री थरल्यात.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आपल्या ३-देशांच्या भोंवडेच्या दुसऱ्या टप्प्यात, आज ३-दिसांच्या भेटीचेर मेलबर्नात पावतले

एल निनोचो प्रभाव आनी तयारीच्या उपाययोजनांचो नियाळ घेवपा खातीर प्रधानमंत्री कार्यालयान बसका घेतली.

इथेनॉल मिश्रण कार्यक्रम हो एक वैज्ञानिक रितीन सिद्ध जाल्लो उपक्रम आसा, ताका लागून अर्थीक आनी पर्यावरणीय नदरेन म्हत्वाचो फायदो जाला अशे कैंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलें.

दादल्यांच्या क्रिकेटांत, काल राती नॉटिंगहॅमच्या ट्रेंट ब्रीज हांगा जाल्ल्या तिसऱ्या टी-२० आंतरराष्ट्रीय मॅचींत इंग्लंडन भारताक १२५धांवड्यांनी हारयलो.

PM Indonesia – 45

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी इंडोनेशियाच्या संसदेत उलोवप करपी पयलेच भारतीय प्रधानमंत्री थरल्यात.
जकार्तात इंडोनेशियाच्या लोकप्रतिनिधींक उद्देशून उलयतना, मोदी हाणी सामायिक-सांस्कृतीक दायज, लोकशाहीचीं मूल्यां आनी फुडारा खातीरच्या समान दृष्टिकोनाचेर आदारीत आशिल्ल्या द्विपक्षीय संबंधांच्या एका नव्या युगाचो उलो मारलो. भारताचे वर्णन Mother of Democracy अशे करत प्रधानमंत्र्यांनी म्हळें .

PM Australia – 60

आपल्या ३-देशांच्या भोंवडेच्या दुसऱ्या टप्प्यात, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज ३-दिसांच्या भेटीचेर मेलबर्नात पावतले, जंय ते ऑस्ट्रेलियाचे प्रधानमंत्री अँथनी अल्बनीज हांचे वांगडा तिसऱ्या भारत-ऑस्ट्रेलिया वार्षिक शिखर परिशदेंत वांटो घेतले. प्रधानमंत्री मोदी भारत-ऑस्ट्रेलिया सीईओ फोरमांत लेगीत वांटो घेतले, जंय ते दोनूय देशांतल्या वरिश्ठ वेवसायीक फुडाऱ्यांच्या मेळाव्याक संबोधीत करतले. भारत-ऑस्ट्रेलिया संबंदाचो एक भक्कम आधारस्तंभ आशिल्ल्या भारतीय समुदायाच्या व्हडल्या मेळाव्याक मोदी संबोधीत करतले.

PMO – 170

प्रधानमंत्री कार्यालयान (PMO) 'एल निनो' चो वेगवेगळ्या क्षेत्रांचेर जावपी संभाव्य परिणाम आनी ताचेर उपायांचो नियाळ घेवपा खातीर काल एका उंचेल्या पावडयावेली नियाळ बसका घेतली. ही बसका 'सेवा तीर्थ' हांगा प्रधानमंत्र्यांचे प्रधान सचिव डॉ. पी. के. मिश्रा हांच्या अध्यक्षतेखाला जाली. या बसकेत पंदरा परस चड मंत्रालयांचे सचिव आनी वरिष्ठ अधिकारी उपस्थित आशिल्ले. एकंदर परिस्थितीचेर सतत नदर दवरची आनी मॉन्सूनचो वा कळाव जाल्ल्या मॉन्सूनचो संवेदनशील जिल्हयांचेर जावपी परिणामाचें राज्यां कडेन समन्वयान मुल्यांकन करचें, जाका लागून गरज पडल्यार उपाययोजना करप शक्य जातलें अशें निर्देश डॉ मिश्रान दिले.

गोरवां खातीर पूरक खाद्याची उपलब्धताय निश्चित करपा वांगडाच खावड विकास येवजणो आखप आनी राज्यां वांगडा सतत देखरेख दवरपाची सूचना लेगीत दिली. बसकेच्या वेळार आयएमडी (IMD) च्या अधिकाऱ्यांनी जून आनी जुलै म्हयन्यांत आता मेरेन जाल्ल्या पावसाची सगळी माहिती मांडली. हवामान विभागाच्या महासंचालकांनी देशांतल्या पावसाच्या प्रगतीची आनी एल निनोच्या संभाव्य परिणामांची माहिती दिली. संवेदनशील राज्यांनी 'प्रधानमंत्री फसल बिमा योजना' आनी 'किसान क्रेडिट कार्ड' च्या कव्हरेजा खातीर मोहिमो सुरू केल्यात, आनी कृषी, वित्तीय सेवा आनी सहकार विभागाक ठरावीक मुदतींत चडांत चड कव्हरेज सुनिश्चीत करपाची सुचोवणी केली.

इथेनॉल मिश्रण कार्यक्रम हो एक वैज्ञानिक रितीन सिद्ध जाल्लो उपक्रम आसा, ताका लागून अर्थीक आनी पर्यावरणीय नदरेन म्हत्वाचो फायदो जाला अशे कैंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलें. ते नवी दिल्लींत जाल्ल्या 'विकसित भारत परिशदेंत उलयताले. गडकरी हांणी ऊर्जा सुरक्षा साध्य करपा खातीर आनी जीवाश्म इंधनाच्या आयातीचेर आशिल्लें अवलंबित्व उणें करपा खातीर पर्यायी जैवइंधनाक चालना दिवपाची गरज अधोरेखित केली. पर्यायी इंधनाचे चड वापर प्रदुशण उणें करपाक, इंधन आयात उणी करपाक , गांवगिऱ्या वाठारांनी रोजगाराची संद निर्माण करपाक आनी शेतकारांचें उत्पन्न वाडोवपाक मदत करतले अशें तांणी नदरेक हाडलें.

भारत बऱ्या दर्ज्याचे मानक, धोरणात्मक आदार, कुशळटाय उदरगत, आनी बाजारांत सोंपें प्रवेश हांचे वरवीं संवसारीक पांवड्यार स्पर्धात्मक खेळणीं तयार करपाची पर्यावरण यंत्रणा तयार करता अशें कैंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलां. त्यो नवी दिल्लींत टॉय असोसिएशन ऑफ इंडियान आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत उलयताल्यो. संयुक्त अरब अमिराती आणि ऑस्ट्रेलिया वांगडा जाल्ले करार, तशेंच 'पीएम मुद्रा' आनी 'निर्यात केल्ल्या उत्पादनांचेर शुल्क आनी कर माफी' यांसारख्या येवजनयांक लागून भारतीय खेळणी उत्पादकांक उत्पादन वाढवप, निर्यात वाढवप आणि जागतिक बाजारपेठेत स्पर्धा करप शक्य जाता अशे तांणी सांगले. भारताची खेळणीं निर्यात 2025-26 वर्सा 186 दशलक्ष डॉलर्सचेर पावली, जाल्यार आतां भारतीय खेळणीं 153 देशांनी पावल्यात अशें तिणें सांगलें.

भारताच्या येजमाणेखाला आयज सावन केरलातल्या कोचीत दोन दिसांची ब्रिक्स (BRICS) महिला मंत्रीस्तरीय परिशद जातली. हे बसके वेळार ब्रिक्स वांगडी देशांतले मंत्री सहकार घटमूट करतले आनी देशाच्या ब्रिक्स अध्यक्षते खाला बायलांच्या फुडारपणा खाला उदरगती खातीर सामायिक दृष्टिकोण मुखार व्हरतले अशें बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयान सांगलें.   ह्या म्हयन्याच्या 6 आनी 7 तारखेक जाल्ले ब्रिक्स महिला कार्यगटा'च्या बसके उपरांत हि बसका जाता.

GoyalReddy–50

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी काल कैंद्रीय कोळसो आनी खण मंत्री जी किशन रेड्डी हांच्या वांगडा कोळसो आनी खण क्षेत्रा संबंदीत एका उंचेल्या पावंड्या वेल्या बसकेची सह-येजमानकी

चलयली. संसाधनांची उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर, खण उदरगतीक गती दिवपा खातीर आनी उद्योगांचो सहभाग वाडोवपा प्रोत्साहन दिवपा खातीर उपाय येवजणेचो नियाळ बसकेंत घेतलो.

Youth–50

संसदीय कामकाज राज्यमंत्री अर्जुन राम मेघवाल हांणी काल नवी दिल्लींतल्या संसद भवन संकुलांत विद्यापिठां आनी म्हाविद्यालयां खातीर सतरावी राष्ट्रीय युवा संसद सर्त, 2024-25 खातिरचे पुरस्कार भेटयले. काश्मीर विद्यापिठाच्या विद्यार्थ्यांनी सर्तींत पयलें स्थान मेळयलां. देशभरांतल्या 51 विद्यापिठांनी आनी म्हाविद्यालयांनी ह्या सर्तींत वांटो घेतील्लो.आकाशवाणी न्यूजा कडेन उलयतना विद्यार्थ्यांनी हो पुरस्कार मेळिल्ल्यान खोशी उक्तायली.

IndieHaat–85

वस्त्रोद्योग मंत्री गिरीराज सिंग या म्हयन्याच्या १३ तारखेर ‘इंडी हाट - भारताच्या गिरेस्त हातमाग आनी हस्तकला दायजाचो उत्सव’ हाचें उद्घाटन करतले. वस्त्रोद्योग मंत्रालयान एका निवेदनांत म्हळां, 'इंडी हाट २०२६' १० ते १९ जुलै या काळांत नवी दिल्लींतल्या राष्ट्रीय हस्तशिल्प संग्रहालय आनी हस्तकला अकादेमींत  जाता. हो उपक्रम भारतांतल्या सगळ्यांत व्हड जागतिक वस्त्रोद्योग सुवाळ्या वांगडा म्हणजेच 'भारत टेक्स २०२६' कडेन जोडिल्लो आसा, जो १४ ते १७ जुलै या काळांत भारत मंडपमात आयोजीत केला. इंडी हाट हो उपक्रम भारताची पारंपारिक कलाकुसर जागतिक प्रेक्षकां मुखार दवरपा खातीर तयार केला.

संविधान (एकशें एकुणतीसावी दुरुस्ती) विधेयक, २०२४ आनी केंद्रशासीत प्रदेश कायदे (दुरुस्ती) विधेयक, २०२४ हांची पडताळणी करपी संसदेची संयुक्त समिती (JPC), 'एक देश, एक वेचणूक' म्हळ्यार  देशांत एकाच वेळार वेचणुको घेवपाच्या प्रस्तावाचेर राष्ट्रव्यापी विचारविनिमयाचो एक वांटो म्हणून १० आनी ११ जुलैक गोयांत दोन दिसांच्या अभ्यास भोंवडेर येतली.

खासदार पी. पी. चौधरी हांच्या अध्यक्षतेखालची ही समिती, गोयातल्या वेगवेगळ्या घटकांकडेन संवाद सादतली. या संवादा वरवीं प्रस्तावित घटनात्मक आणि कायदेशीर दुरुस्त्यांबद्दल वेगवेगळ्या घटकांचे विचार आणि दृष्टिकोन जाणून घेतली.

IMD – 50

फुडल्या 2-3 दिसांत उत्तर अरबी दर्या, राजस्थान, हरियाणा आनी पंजाबाच्या उरिल्ल्या वाठारांनी नैऋत्य monsoon आनीक फुडें सरपा खातीर परिस्थिती अनुकूल आसा अशी म्हायती भारतीय हवामान खात्यान दिल्या. हवामान खात्यान आयज उप हिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, महाराष्ट्र, दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक, उदेंत राजस्थान, गुजरात, कोंकण आनी गोंय आनी दक्षिण कर्नाटकच्या भीतरल्या वाठारांनी दाट उटगाराचो अदमास उक्तायला.

Cricket – 80

दादल्यांच्या क्रिकेटांत, काल राती नॉटिंगहॅमच्या ट्रेंट ब्रीज हांगा जाल्ल्या तिसऱ्या टी-२० आंतरराष्ट्रीय मॅचींत इंग्लंडन भारताक १२५धांवड्यांनी हारयलो. इंग्लंडन दिल्ल्या 202 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाव करतना  भारताच्यो एकाफाठोफाठ एक विकेट्स पडल्यो आनी पुराय टीम ११.४ ओव्हरांनी फकत ७६ धांवड्यांचेर बाद जाली.